Panaji regional 26th March 2025 7.25am

Ganesh – 270

भारतीय जनता पक्षाचे सरकार संविधानाचो आदर करता. काँग्रेस सरकार आसताना १९६० ते १९८४ मेरेन ७ खेपो घटनादुरुस्त्यो जाल्यो, हो इतिहास आसा. अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पावणी जाल्ल्या १२ खण ब्लॉकां पयकी उण्यात उणे ९ खण ब्लॉक डिसेंबर २०२५ मेरेन सुरू जातलें. डम्पाच्या पावणेची प्रक्रीया सुरू आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

रस्ते परत परत खणपाचे प्रकार बंद जावपा खातीर २ एप्रील सावन रस्ते करताना युटीलीटी डक्टस घालप सक्तीचे जातलें, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. राज्यपालांच्या अभिभाशणावेल्या चर्चेचो समारोप करताना मुखेलमंत्र्यांनी ही म्हायती दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे भाशणा उपरांत अभिभाशणा खातीर राज्यपालांक परबी दिवपी थाराव संमत जालो.

रस्ते केल्या उपरांत ते तरेकवार कारणा खातीर खणले वता. ते परत परत खणपाची गरज पडची न्हय म्हूण नव्या रस्त्यां खातीर युटीलीटी डक्टस म्हळ्यार उपकरण वाहिनी घालप सक्तीचे जातलें. हाका लागून वीज, उदक वा घाणयाऱ्या उदका खातीरचे पायप रस्तो खणी नासताना घालप शक्य जातलें.

विकसित गोय २०३७ मेरेन पुराय करपाचे उद्दीश्ट आसा. स्वयंपूर्ण गोंय मोहीमेक लागून भाजी तशेच शेतम्हालाचे उत्पादन वाडला. भाजयेचे उत्पादन वाडिल्ल्यान फलोत्पादन म्हामंडळावरवी जावपी भाजयेच्या आयातीचे प्रमाण ३० टक्क्यांनी उणें जाला. जनतेक बऱ्यात बऱ्या भलायकी सेवा दिवपाचे तरकाराचे येत्न आसून १०८ ॲम्बुलन्स सेवेन (इएमआरआय) ७ लाख ८८ हजार ९५ कॉल्साची हाताळणी करताना ६२ हजार जीव वाटायल्या. तशेच ११७० डिलीवरीच्यो केशी हाताळल्या. मुख्यमंत्री हेल्पलायनी वरवी आयिल्ल्या ९८ टक्के कागाळी सुटाव्यो केल्या. उजो पालोपी दळान ६४२५ कॉल्स हाताळटाना ५३ जाणांचे जीव वाटायल्या. तशेच ४६६ जनावरांकूय वाटायला, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

Casino Rashmi

रितसर परवानो घे नासतना लायव्ह गेमिंग करपी कॅसिनोक बंद उडयात, तशेच कॅसिनोकडल्यान 350 कोटी रुयाचे महसुलाचे जे येणे आसा, ते सरकारान संबंधित कॅसिनोकारांकडल्यान फारीक 31 मार्च मेरेन करुन घेवचे अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला. फाटल्या 13 वर्सांत दर 6 म्हयन्यांनी कॅसिनोंच्या परवान्यांचे 23 फावट नुतनीकरण जाला. कॅसिनोक लागुन गोंयची संस्कृताय पेड्यार जाता अशे युरी हांणी म्हणला. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी 31 मार्च मेरेन जांचेकडल्यान महसुल फारीक करप शक्य आसा ते करता, जाल्यार कांय कॅसिनोंचेर महसुल फारीक ना केल्यान सरकारान न्यायालयात याचिका दाखल केला. याचिकाचेर निवाडो जाल्या उपरांत ह्या कॅसिनोकडल्यान 3 म्हयन्याभितर महसुलाचे येणे फारीक करता अशे आस्वासन सभाघरात दिला.

Mundkar - 160

मुंडकाराक भाटकार सतयता, मुंडकाराक उदका परवानो, वीज जोडणी, वा घराचे नुतनीकरण करपाक , शोचालय बांधपाक भाटकार आडमेळी हाडटा अशे मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. कांय भाटकार, मुंडकाराक ह्या ना त्या कारणाचे निमित करुन कोत्रपणा करुन उपरातं तांका ती सुवात खाली करपाक भाग पाडटात, ह्या अशा प्रकरणांचेर सरकार किते कारवाय करतलो कांय असो प्रस्न शेट हांणी महसुल मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांका केल्लो.

ह्यावेळार महसुल मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांणी मुंडकार कायद्याच्या कलम 6 आनी 17 प्रमाण ह्यो सगल्यो सुविदा मेळोवपाक हक्क आसा अशे म्हणला. जाल्यार जर खंयचो भाटकार मुंडकाराक असो त्रास करता आसत जाल्यार तांणे भाटकारा आड पुलिस कागाळ करची अशे विधान मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

जाल्यार 2022 मेरेन सरकाराकडे 2500 मुंडकाराचे प्रकरणा नोंद जाल्ली. हांतुल्ली 2300 दावे निकालात काडल्या अशी म्हायती मंत्री बाबुश नोम्सेरात हांणी दिल्या.

Subhash 12th - 50

गोंय शालांत मंडळाच्या फेब्रुवारी २०२५ बारावी परिक्षेचो निकाल फाल्या सांजवेळा ५.०० वरांचेर जाहीर जातलो. शालांत मंडळाच्या परवरी कार्यालयातल्या परिशद सभाघरांत एका पत्रकर परिशदेत निकाल घोषीत जातलो अशें गोंय शालांत मंडळान कळीत केलां. अंदुची बारावेची परीक्षा १० फेब्रुवारी ते १ मार्च मजगती जाल्ली. राज्यभरांतल्या २० परिक्षा केंद्रांनी ही परिक्षा जाली.

आयपीएल - ७०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल अहमदाबादेत जाल्ल्या सर्तीत पंजाब किंग्ज पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक ११ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना पंजाब किंग्ज पंगडान २४३ धावंड्यो केल्ल्यो. पंजाब किंग्जच्या श्रेयस अय्यर हांणे नाबाद ९७ धावंड्यो केल्यो. २४४ धावंड्यांचे मोख गुजरात टायटन्स पंगडा मुखार आशिल्ले. पूण तांका ५ बाद २३२ धावंड्यो करप शक्य जाले. ताका मॅन ऑफ द मॅच म्हूण घोशित केले. आयज राजस्थान रॉयल्स कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ गुवाहाटीत सांजे ७.३०क जातलो.